रश्मी 140

देशाच्या सामाजीक,अर्थिक, आनी राजकीय मळार बायला महत्वाची भुमिका साकारपाक शकता. आनी ताकाच लागुन ही माची दीवपाक केंद्र सरकारान हाडील्ले नारी शक्ती वंदन अधिनियमन विधेयक महत्वाचे आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.धोरणा आखतना,तशेच नवे कायदे तयार करतना ,बांयला लोकप्रतीनीधींचो आसपाव महत्वाची आसा अशे तांणी म्हळा.

town hall of women nari shakti forum कार्यावळीत ते मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.ह्यावेळार माचयेर गोंयातल्या वेगवेगळया मळार नामना जोडील्ली मानेस्त बायला आशील्ली. assochem संघटनेची बायल फाट्याची अध्यक्ष पल्लवी साळगांवकार , gcci ची अध्यक्ष प्रतीमा धोंड, नामनेची दोतोर  दो.आयडा मुखर्जी, पद्मश्री शशी सोनी तशेंच हेर मानेस्त ह्यावेळार हाजीर आशील्ली.

ह्या विधेयकांन बायलांक देशाच्या जडणघडणीत वाटो घेवपाक महत्वाची माची दील्या अशे मत ह्यावेळार मानेस्तांनी व्यक्त केले. 33% राखीवता 2029 मेरेन लागु जाल्यार लोकसभेत 273 बायला लोकप्रतीनीधी आसतली ,हे विधेयक कायद्यात रूपांतरीत जावन प्रत्यक्ष ताची अंमलबजावणी जावप महत्वाचे आसा अशे ह्या बायला प्रतीनीधीनी मत व्यक्त केला.

रश्मी 90

विकसित भारत करतना बायलांनी निर्णयक्षमता प्रक्रीयेन वाटो घेवपाक जाय अशे मत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला.  नारी शक्ती वंदन अधिनियमन विधेयक कायदो जाल्या उपरांत गोयच्या राजकारणान लेगीत बायला प्रतीनीधींचो सहभाग वाडटलो अशे मत ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान व्यक्त केला.नारी शक्ती वंदन  अधिनियमनाची विधेयकाची  म्हायती  दीवपी नारी शक्ती सन्मेलन पणजे आयोजित केल्ले. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाजीर आशील्ले. बायलांचो राजकारणातलो सहभाग वाडल्यार  बायलांचे सशक्तीकरण जायत जाल्यार देशाक नवे वळण  मेळटले, तशेंच बायलांक लोकप्रतीधीनी देशाच्या उदरगतीत  धोरणा आखपाक सहभाग घेवप महत्वाचे थारतले अशे  मत मानेस्तांनी ह्यावेळार व्यक्त केले. ह्या कार्यावळीतप्राचार्य रोशनी शिरवयकर,रणजीता पै,प्रा.पुर्णकला सामंत, प्रा.सीमा साळगांवकार,,विद्या गावडे हांणी वाटो घेतील्लो.

रश्मी 70

केंद्र सरकाराच्या नारी शक्ती वन्दन अधिनियम विधेयकावरवी बायलांक 33%  राजकी  आरक्षण दीवप हे बरेच आसा मात ताची अंमलबजावणी  करतना योग्य प्रक्रिया पाळपाक जाय आनी उतावळेपणान जावपाक जायना  अशे काॅग्रेस बायला अध्यक्ष प्रतिक्षा खलप हाणी

म्हणला. बायलांक 33 टक्के आरक्षण दिवप ही "काळाचीा गरज" आसा पुण  राष्ट्रीय जनगणना पुराय जाले उपरांत आनी मतदारसंघांची मर्यादा थारायल्या उपरांतच ती सुरू करची पडटली अशे ताणी म्हणला.पणजे congress house त घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ती उलयताली.

रश्मी / dip 210

विद्यार्थी दशेतल्या आयच्या भुरग्यांनी आनी फुडारातल्या विकसित भारतातल्या तरणाट्यांनी जिज्ञासापुर्वक लक्ष दवरून शिकचे, दुबाव  आसल्यार प्रश्न विचारचे तशेंच नावीन्याचो ध्यास घेवचो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. शाळांतल्या अणभवात्मक शिक्षणाक बळकटी दिवपाच्या दिकेन एक म्हत्वाचे पावल म्हूण  गोंय सरकारन आयज कुंभारजुवा हांगाच्या पी.एम. श्री विद्यालयांत “तारे  जमीन  पर” मोबाईल STEM आनी डिजिटल  प्लॅनेटेरियम उपक्रमाचें उक्तावण जालें. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी “तारे जमीन पर” अशें नाव दिल्ल्या गाडयेक बावटो दाखोवन उपक्रमाचें उक्तावण केले. राज्यभरातल्या विद्यार्थ्यां मेरेन संवादात्मक आनी प्रत्यक्ष  कृतीतल्यान  विज्ञान  शिक्षण पावोवप हो ह्या उपक्रमाचो उद्देश  आसा.

ह्या मोबायल व्हॅनीत एक डिजिटल तारांगण आसा,  जे थेट शाळांनी खगोलशास्त्र आनी अवकाश विज्ञानाचे अणभवात्मक कार्यक्रम सादर करतले.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी, हो उपक्रम शिक्षणाक आधुनिकतेची जोड दिवन आमच्या विद्यार्थ्यांखातीर जिज्ञासा, नवनिर्मिती आनी  संशोधनाचे
नवे मार्ग उकते करतलो. गोंयचे शिक्षण हे फकत  शिक्षणीक गरजे पुरते मर्यादित उर नास्ताना विद्यार्थ्यांक आत्मविश्वासू, कुशळ  आनी फुडारा  खातीर  तयार  करपी  आसपाक  जाय,  अशें तांणी नमूद   केले. ह्या कार्यक्रमा   वरवीं पाचवी   ते धावीच्या   विद्यार्थ्यांक संवादात्मक सहभागाल्यान विज्ञानिक दिश्टीकोन, सर्जनशीलता आनी चिकित्सक

विचार करपाक  प्रोत्साहन मेळटले, अशें तांणी सांगलें.
ह्यावेळार कुंभारजुवेचे  आमदार राजेश फळदेसाय, शिक्षण खित्याचे अधिकारी आनी हेर मानेस्त हाजिर आशील्ले. हो उपक्रम मोबायल डिजिटल प्लॅनेटॅरियम आनी पोर्टेबल स्टेम लॅब गोंयभरांतल्या शाळांनी व्हरतलो, जाका लागून विद्यार्थ्यांक विसर्जनशील खगोलशास्त्राचे अणभव मेळटलो अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

रश्मी 140

पणजी मळा हांगाच्या तळयातले नुस्ते मरपाचे कारण म्हण्ल्यार तळयात सोडील्ले घाणयारे सिवरेजीचे उदक,कोयर,तशेंच tidal flow ना जावप,प्राणवायुचो उणाव ही कारणा जबाबदार आसात अशी म्हायती पणजी म्हापालीकेचे महापौर रोहीत मोन्सेरात हांणी दील्या. हो प्रस्न सुटावो करपाक 6 म्हयन्याभितर सल्लागार नेमतले अशी म्हायती ताणी दीला. मळयातल्या ह्या तळया सयत,सांत इनेज क्रीक,ताळगांवची उदकास्त्रोता आनी अशी उदकाच्या स्तोत्रातले प्रदुशण उणे करपाच्या नदरेतल्यान हो सल्लागार काम करतलो.ही उदकास्त्रोता निवळ करपाक पाच वर्सा लेगीत लागुंक शकता..तात्पुरतो प्रस्न सुटावो केल्या उपरांत परत हो प्रस्न उप्रासुंक शकता, मात उदकाच्या प्रदुशणाक पुर्णविरिम लागपाच्या फांटभुयेर पणजी म्हापालीका काम करता अशे ताणी म्हणला.मळा तळे दुशित करप्यांचेर कारवाय जातली अशी शिटकावणी तांणी दील्या.पणजी मळा तळयांत नुस्ते मरपाच्या घडणुकेच्या फांटभुयेर आयज पणजीचे आमदार आनी मंत्री बाबुश मोन्सेरात, नुसतेमार खात्याचे मंत्री निळकंठ हळर्णकार, पणजी म्हापिलीकेचे महापौर रोहीत मोन्सेरात तशेंच गोंय प्रदुशण नियंत्रण मंडळ,उदकास्त्रोत खाते तशेंच संबंधित हेर खाते प्रमुखावांगडा आयज पर्वरे सचिवालयात बसका जाली.

DIP 90

मिनेझीस ब्रागांझा संस्थेन 18 एप्रिलाक प्रियोळ फार्म हाऊस, खांडेपार फोंडे हांगा बहुभाशीक बायला साहित्यीक मेळाव्याचें आयोजन केला. राज्यांत साहित्य आनी कला-संस्कृतीक प्रोत्साहन दिवपा खातीर संस्थेवतीन दर वर्साकार्यशाळां, परिसंवाद, सर्तीं सारखे कार्यक्रम आयोजीत करतात.बहुभाशीक बायला साहित्यीक मेळाव्याचें उक्तावण 18 एप्रिल 2026 दिसा सकाळी 9.30 वराचेर समाज सेविका सुलक्ष्णा सावंत हांचे हस्तुकीं हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत जातले. साहित्याच्या मळार योगदान दिलली बायला ह्या मेळाव्यात वाटो घेतली . मेळाव्यात कविता लेखन, साहित्य लेखनाचेर चर्चा आनी मर्गदर्शन सत्रां जातली.समारोपाची कार्यावळ सांजेच्या 4.30 वराचेर जातली. गोंयच्या बायला लेखकांनी ह्या बहुभाशीक बायला साहित्यीक मेळाव्यात सहभागी जावचे, अशी विनंती संस्थेन केल्या.

Dip 90

नामनेचे शास्त्रज्ञ आनी पद्मभूषण पुरस्कार जैतिवंत डॉ. रघुनाथ माशेलकर हांकां तांच्या विज्ञान, संशोधन आनी राष्ट्र उबारणीच्या मळावयल्या उत्कृश्ट योगदाना खातीर फाल्या ‘गोमंत गौरव सन्मान’ भेटयतले. कला अकादमीत आयोजीत गोवा 2037: गिन्यान, उद्देग आनी शाश्वताय परिशदेत डॉ. रघुनाथ माशेलकर हांकां ‘गोमंत गौरव सन्मान’ भेटयतले. कार्यक्रमाक सांजेच्या

4.00 वराचेर सुरवात जातली आनी सांजेच्या 6.00 ते 7.00 वरा मजगती सन्मान सुवाळो जातलो.

गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स ॲण्ड इंडस्ट्री आनी एमआयटी वर्ल्ड पीस युनिवर्सिटी हांच्या जोड पालवान परिशदेचे आयोजन केला. 2037 मेरेन गोंयांक शिक्षण, उद्देग आनी शाश्वतायेचे हब करपा खातीर उद्देग, शिक्षण आनी धोरण तयार करपी मळावयले प्रतिनिधीं ह्या परिशदेच्या माचयेर चर्चा करतले.

Dip 290

येवपी जनगणनेचो 'हाऊस लिस्टिंग ऑपरेशन' (एचएलओ) टप्पो 16 एप्रील ते 15 मे 2026 मेरेन पुराय गोंयांत जातलो अशें नियोजन, सांख्यिकी आनी मूल्यांकन संचालनालयान जाहीर केलां.ह्या टप्प्यांत सुमार 3000 प्रशिक्षीत गणक दरेका घराक भेट दिवन घरांची स्थिती, घरगुती सुविधा आनी मालमत्ता हांचे संबंदीत गरजेची म्हायती एकठांय करतले. ही म्हायती मोबायल ॲप्लिकेशनां वापरून गणक डिजिटल रितीन एकठांय करतले, अचूकता आनी कार्यक्षमताय सुनिश्चीत करतले. ही म्हायती जनगणनेच्या उपरांतच्या लोकसंख्या गणनेच्या टप्प्याक आदार दितली; हो फुडलो टप्पो 9 ते 28 फेब्रुवारी 2027 मेरेन देशभरांत चलतलो.

पारंपारीक गणना प्रक्रिये वांगडाच, 'स्वयं गणना' ही सुविधाय 1 ते 15 एप्रिल 2026 मेरेन लोकांक उपलब्ध करून दिल्या .ह्या डिजिटल उपक्रमाक लागून रहिवाशांक आपली घरची म्हायती ऑनलायन, सोयीस्कर आनी सुरक्षीतपणान सादर करपाक मेळतली . गोंयांत ह्या उपक्रमाक व्हड प्रतिसाद मेळ्ळा, व्हड संख्येन घरांनी-12 हजारां वयर-आपली स्वताची गणना करपाची प्रक्रिया पयलींच पुराय केल्या.

स्वताची गणना प्रक्रिया पुराय केल्ल्या रहिवाशांनी सत्यापन आनी प्रक्रिया पुराय करपा खातीर घरांत भेट दितना आपलो खाशेलो 'स्वयं गणना वळख क्रमांक' (एसई आयडी) गणका कडेन दिवपाची विनंती केल्या.

जनगणना कायदो, १९४८ च्या तरतुदी प्रमाण, गणकान विचारिल्ल्या ३३ प्रस्नांक (अधिकृत राजपत्रांत अधिसुचोवणी दिल्ल्या प्रमाण) अचूक जाप दिवप ही नागरिकांची कायदेशीर जापसालदारकी आसा. तशेंच जनगणनेच्या अधिकृत उद्देशां खातीर आपल्या घराच्या मुख्य

दारार वा दर्शनी वणटीचेर 'जनगणना घर क्रमांक' (Census House Number) नोंदवून घेवपाच्या कामात गणकांक सहकार्य करचे , अशीय रहिवाशांक विनंती केल्या .

अचूक आनी वेळार म्हायती दिवन जनगणना अधिकाऱ्यांक पुरायपणान सहकार्य करपाची विनंती आसा. सगळे गणक आपलीं वैध वळखपत्रां घेवन येतले; एकठांय केल्ली सगळी म्हायती खरपणान गुप्त दवरतले आनी फकत सांख्यिकी उद्देशां खातीर वापरतले.

जनगणना हि एक खूब म्हत्वाची राश्ट्रीय मोहीम, जी सरकारी धोरणां आनी कल्याणकारी येवजण्यो नियोजन आनी चालीक लावपाक आदार करता. ह्या मोहिमेची अचूकता आनी येसस्वीताय सुनिश्चीत करपा खातीर भौसाचो सक्रीय सहभाग खूब म्हत्वाचो आसा. नागरिक खंयच्याय दुबावा खातीर वा मजती खातीर टोल फ्री हेल्पलायन क्रमांक 1855 कडेन संपर्क सादपाक शकता.

स्पोर्ट्स

वेदर 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान ३४.२ अंश celcius आसतले जलयार किमान तापमान 23.८ अंश celcius आसतले

महेश 150

राज्यभर तापमान वाडत आशिल्ल्यान दक्षिण गोंय जिल्लो आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणान भौशीक सुरक्षेचो म्हत्वाचो सल्लो जारी केला. सगल्या नागरिकांनी सध्याच्या उश्णताय ल्हारां पासून स्वताची राखण करपा खातीर बेगोबेग जतनाय घेवची अशें आवाहन केलां, जाका लागून उश्णताय आनी थकपाचो त्रास जावचो ना.तान नासली तरी भरपूर उदक पियेवन कुडींतली उदकाची पातळी टिकोवपाचो दिला. ओआरएस, नाल्लाचें उदक, लस्सी सारकिले पारंपारीक पेयां घेवपाची शिफारस केल्या, जाल्यार सोरो, च्या आनी कॉफी टाळची, कारण ताका लागून कुडीच्या उदकाची पातळी कमी जाता. भायर सरतना हलक्या रंगाचे सुती कपडे घालचे, सत्री, तोपी आनी गोगळ वापरून स्वताची राखण करची. श्रमीक कामां थंड वेळार करची आनी भायर काम करपी कामगारांक मदी मदी विसव दिवचो असो खासा सल्लो नियोक्त्यांक दिला.सगळयांत म्हत्वाचें म्हणल्यार भुरग्यांक वा पाळीव जनावरांक केन्नाच पार्क केल्या वाहनांत सोडचे न्हय, कारण तापमान काय मिनटां भितर जिवाक धोको निर्माण करपी पातळे मेरेन पावूं येता. तुमकां वा तुमच्या भोंवतणच्या कोणाकूय घुंवळ आयल्यार वा अस्वस्थताय दिसल्यार उपकार करून रोखडेंच दोतोरा कडेन वचचें. सादूर रावचें, हायड्रेटेड रावचें आनी सुरक्षीत रावचें.